Panaji National 1st June 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत म्यानमाराच्या राष्ट्राध्यक्षा बरोबर चर्चा करतले.

- संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंह आणि ऑस्ट्रेलियाचे उपप्रधानमंत्री आनी संरक्षणमंत्री रिचर्ड मार्ल्स आज नवी दिल्लीत दुसऱ्या भारत-ऑस्ट्रेलिया संरक्षणमंत्री संवादाची सह-यजमानकी चलैतले.

- शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आज मध्यप्रदेशात खेत बचाओ अभियान सुरू करतले.

- रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून सेगीत दुसरे खेपे आयपीएल सर्त जिखली.

PM Myanmar –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष ऊ मिन आऊं लाइन् बरोबर चर्चा करतले. दोनूय देशां मदले इतिहासीक आनी संस्कृतीक संबंद आनीक घटमूट करपा विशीं ही उलोवणी जातली. सुरक्षा आनी कनेक्टिव्हिटी सयत म्यानमार आनी भारत हांचे मदल्या संबंदांच्या पुराय आंगाचेर ह्या चर्चे वेळार विचारविनिमय जातलो. राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत दोवाल हांणी काल सांजवेळा दिल्लींत म्यानमाराच्या राष्ट्राध्यक्षाची भेट घेतली. म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष भारताच्या पांच दिसांच्या भोंवडेर शेनवारा बिहारांतल्या गया शारांत पावले. ताचे वांगडा cabinet मंत्री, वरिश्ठ अधिकारी, वेवसायीक फुडारी हांचो आस्पाव आशिल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले शिश्टमंडळ आसा.

PM MKB –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांक सध्याच्या खर उश्णतेच्या काळात सामकी जतनाय घेवपाचे आनी सरकारी मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवचे अशें आवाहन केलां. ते आकाशवाणी वयल्या 'मन की बात' कार्यावळींत उलयताले. Byte

मोदी हांणी गोयांतले एक सेवानिवृत्त शिक्षक बाळकृष्ण अय्या हांchoy उल्लेख केलो, जांनी लोलये - माड्डीतळप वाठारांतल्या उदकाच्या प्रस्नाचेर उपाय काडपा खातीर काम करपाक सुरू केल्लें. हे बद्दल उलयताना बाळकृष्ण अय्या हाणी सांगलें Byte

India Australia –

संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंह आणि ऑस्ट्रेलियाचे उपप्रधानमंत्री आनी संरक्षणमंत्री रिचर्ड मार्ल्स आज नवी दिल्लीत जावपा आशिल्ल्या दुसऱ्या भारत-ऑस्ट्रेलिया संरक्षणमंत्री संवादाचे सह-यजमानकी चलैतले. ह्या संवादांत संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्य घटमूट करप, लश्करी परस्पर कार्यक्षमता वाडोवप तसेच संयुक्त विकास आणि संयुक्त उत्पादनाच्या संधी, सयत उद्देगीक सहकार्याचेर चर्चा जातली अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. ही बसका द्विपक्षीय सुरक्षा संबंद आनीक घट करपाक, धोरणात्मक विस्वास आनी सहकार्य वाडोवपाक, इंडो-पॅसिफिक वाठारांत स्थैर्य आनी सुरक्षिततेक चालना दिवपाक आनी संरक्षण आनी सुरक्षा मळार सहकार्याच्या नव्या क्षेत्रांची वळख करून दिवपाक मदत करतली अशी अपेक्षा आसा.

Maha polls –

महाराष्ट्रांत, सत्ताधारी महायुती आघाडीन आता जावपा आशिल्ल्या विधानपरिषदेच्या १७ जागांच्या वेचणुकां खातीर काल आपलो सीट-वांटपाचो फॉर्म्युला निश्चित केला. हाज्या प्रमाण, भाजप ११ जाग्यांचेर, शिवसेना ४ जाग्यांचेर, आनी राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्ष (NCP) २ जाग्यांचेर वेचणूक लढयतली.

विरोधी 'महाविकास आघाडी'न (MVA) पयलींच १७ पैकी १५ जाग्यांचे वांटप जाहीर केल्लें, जातूंत काँग्रेस ८ जाग्यांचेर, शिवसेना (UBT) ४ जाग्यांचेर आनी शरद पवार यांच्या फुडारपणा खालची राष्ट्रवादी काँग्रेस (NCP) ३ जाग्यांचेर वेचणूक लढयतली. उरिल्ल्या नाशिक आनी नांदेडच्या जाग्यां विशीं अजूनय चर्चा चालू आसा.

या वेंचणुके खातीर उमेदवारी दाखल करपाचो आज निमाणो दीस.

Chauhan –

शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आज मध्यप्रदेशातल्या रायसेन जिल्ह्यांतल्यान खेत बचाओ अभियान सुरू करतले. म्हयनोभर चलपी ही मोहीम 30 जून मेरेन चलतली. या अभियानाचो मुखेल भर सारयाचो समतोल आनी विवेकपूर्ण वापर, हवामान-संबंधित आव्हानांच्या फाटभुयेर शेतकारांक वेळार सल्लो दिवप, पंचायत

पांवड्यार सक्रीय सहभाग आनी येवजनांचो लाभ थेट गांवां मेरेन पावोवप हाजेर आसतलो.

अभियान सुरू जावच्या पयलीं, चौहान हांणी सगळ्या राज्यांच्या मुख्यमंत्र्यांक कडेन या अभियानांत वांटो घेवपा खातीर उलोवणी केल्या. मंत्र्यांनी केंद्रीय मंत्री आनी हेर लोकप्रतिनिधींकय या उपक्रमांत वांटेकार जावपाचे आवाहन केलां. तशेंच कृशी विज्ञान केंद्रां, ICAR संस्था, शेतकी विद्यापिठां, केंद्र आनी राज्य सरकारांच्या वरिश्ठ शेतकी अधिकाऱ्यां कडेनय तांणी वर्चुअल संवाद सादलो आनी भौशीक सहभागांतल्यान ही मोहीम मुखार व्हरपाचो उलो मारलो. किसान क्रेडिट कार्ड, प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी, पीक विमा योजना आनी सोईल हेल्थ कार्ड या सारक्या योजनांचो लाभ शेतकारां मेरेन पावोवन या अभियानाक एक बहुआयामी स्वरूप दिवपाक जाय अशें मंत्र्यान मुखार सांगलें.

Fuel –

सध्याच्या भू-राजकीय परिस्थितींतय, देशभर पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजी (रांधपाचो गॅस) सतत उपलब्ध आसतलो, हाची काळजी इंडियन ऑइल, BPCL आनी HPCL ह्यो सार्वजनिक क्षेत्रांतल्यो तेल विपणन कंपन्यो घेतात. या कंपन्यांची टर्मिनल्स, डेपोज, पायपलायन्स, सिलिंडरांनी एलपीजी भरपी प्रकल्प आनी किरकोळ विक्री-केंद्रांच्या व्यापक जाळ्या वरवीं हें साध्य करतात.

कसलोच अडथळो येनासतना पुरवन जायत रावची, हाका लागून ह्यो OMC राज्य सरकारांबरोबर आनी थळाव्या प्रशासनांबरोबर समन्वय साधून काम करतात. नागरिकांनी तांच्या सर्वसामान्य पद्धतीनच खरेदी करची, भिवन खरेदी करप टाळचें, अशें आवाहन केलां. तशेंच, इंधनाच्या उप्लब्धते विशीं अचूक माहिती मेळपा खातीर गिरायकांनी फकत अधिकृत संस्थां कडल्यान आनी तेल विपणन कंपन्यां कडल्यान येवपी अधिकृत माहितीचेरच विस्वास दवरचो, अशेंय आवाहन केलां.

Jal Shakti –

भारताची उदक संशोधन आनी नवनिर्माण परिसंस्था घटमूट करपा खातीर जल शक्ति मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत उदका मळार संशोधन आनी विकासाचेर राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडटलें. मंत्रालयान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, या सुवाळ्याचो एक मुखेल वैशिष्ट म्हळयार उदक साधनसंपत्ती व्यवस्थापन, पिवपाचें उदक, हवामान

लवचिकता आनी उदकाचो योग्य वापर या सारक्या प्राधान्य दिल्ल्या वाठारांनी अत्याधुनिक संशोधनाक चालना दिवपा खातीर उदक उपक्रमाचेर MAHA चो शुभारंभ. मंत्रालय उदक मळार उत्पादन आनी प्रोटोटाइप विकासाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर 'भारत-विन' पोर्टलअंतर्गत Startups आनी सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्योगां खातीर खुली निमंत्रण प्रक्रिया सुरू करतले. या कार्यशाळेंत 'जल संचय जन भागीदारी: Catch the Rain या डिजीटल प्लॅटफॉर्माचोय शुभारंभ जातलो,

या एका दिसाच्या कार्यशाळेंत केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी. आर. पाटील आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंग वांटो घेतले आनी जोडपणान ताचें उद्घाटन करतले.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज गुजरात, केरळ, माहे, लक्षद्वीप, नागालॅंड, मणिपूर, मिझोरम, त्रिपुरा, ओडिसा, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, तामिळनाडू, पुद्दुचेरी, कारायकल आनी अस्तंत मध्यप्रदेशात व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत गडगड आनी कऱ्यांचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, बिहार, झारखंड, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड आनी अस्तंत राजस्थानाचेर गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास उक्तायला. मंगळारा मेरेन तेलंगणा, कोंकण, गोंय, सौराष्ट्र, कच्छ, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर आनी लक्षद्वीपाचेरूय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

IPL –

रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून सेगीत दुसरे खेपे आयपीएल सर्त जिखली. अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जाल्ले फायनलींत तांणी गुजरात टायटन्साचेर 5 विकेटींनी जैत मेळयलें.

पयलीं बॅटींग करतना गुजरात टायटन्सान 8 बाद 155 धांवड्यो काडल्यो. जाप दितना आरसीबीन 18 ओव्हरींत 8 बाद 161 धांवड्यो काडीत जैत जोडलें.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाचो आज निमणो दिस आसा. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.